REGIONAL NEWS  15.11.2025 @ 7.25 AM

रश्मी 65

गोंयात रोजगाराच्यो खुप संद आसात,मात ताचो लाव मेळोवन घेवपाखातीर त्या त्या मळावेले शिक्षण घेवप गरजेचे अशे मत मुखेलमंत्री तशेंच शिक्षणमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला.राश्टीय शिक्षण धोरणाची अमलबजावणी खर पणान आनी गांभीर्यान चालीक लावपी गोंय हे देशभरात आदर्श राज्य थारला अशेय मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळर म्हळा. फुडल्या 25 वर्सा उपरांतचो एक बरो नागरीक घडोवपाक  शिक्षण हे प्रभावी माध्यम .शाळांनी विद्यार्थ्यांक बरी शिक्षणपद्धत आपणावन घडोवचे अशेय आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला.

Byte: Cm

**रश्मी 20**

बिहारात जाल्या वेचणुकेत लोकांनी NDA सरकाराक स्पश्ट बहुमत दिल्ले खातीर गोयचे मुख्यमत्री प्रमोद सावंत हाणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी बिहारचे मुख्यमंत्री नितिश कुमार हांका परबी भेटयली byte

MUNDA २०

स्वातंत्र्य सैनिक तशेच आदिवासी फुडारी भगवान बिरसा मुंडा हांची जयंती आज पुराय देशभरात मनयतात.आज्चो दिस जन जातीय गौरव दिस म्हण मनयतात

सुशांत 50

तियात्र मळाचेर फाटली कितलीशीच वर्सां काम  म्हालगडे तियात्रिस्त सांतान परेरा, जॉकी लॉरेन्स फर्नांडीस आनी लेस्ली परेरा हांकां गोवा तियात्र अकादेमीचे जीवन गौरव पुरस्कार जाहीर जाल्या. पाय तियात्रिस्त जुवांव आगुस्तीन फर्नांडिस हांच्या जल्मदिसा निमतान जावपी कार्यावळीत हे पुरस्कार दितले अशी म्हायती तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांणी दिली.

प्रसाद 70

बोरीच्या स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयांत हालींच "ए.आय.आनी बदलपी संवसार" ह्या विशयाचेर सर्त घडोवन हाडली.

विद्यार्थ्यां मदीं ए.आय. विशीं जागृताय निर्माण करप आनी ह्या विशयाचेर तांकां आपले विचार मांडपाक एक माची मेळप हो हे वक्तृत्व सर्तीचो हेत.ह्या कार्यक्रमाक म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य प्रा.अच्युत पेडनेकार हांणी सगळ्या विद्यार्थ्यांची तोखणाय केली आनी आमच्या दिसपट्ट्या जिणेंत ए.आय. ताणी विद्यार्थ्यांक शिकपाक आनी आपलें गिन्यान वाडोवपाक ए.आय.चो वापर करचो, पूण ताचेर आदारून रावचो न्हय असो सल्लो दिलो.

**RASHMI 95**

विद्यार्थी दशेतल्या भुरग्यामदी  तशेंच तरणाट्यामदी सहकार क्षेत्राविशी  जागृताय जावपाक जाय, सहकार क्षेत्रात ज्यो संद्यो आसात तांचे विंशी तांणी तांचो फुडार कशा पध्दतीन घडोंवक शकता, सहकार म्हणल्यार किते, सहकाराचे गट तयार कशें जातात, ह्या गटांचो फुडार किते, गोंयच्या सहकार चळवळीची म्हायती हे विंशी जाणवीकाय जावप गरजेचे अशे मत सहकार खात्याचे मंत्री सुभाश शिरोडकार हांणी व्यक्त केला. सहकार  तशेचं, शेती आनी , सहकार मळावेली हेर क्षेत्रा, तशेंच घडामोडी , संद्यो हे विंशी जागृताय जायत जाल्यारुच गोंयातली सहकार चळवळ घटमुट जातली असो विस्वास तांणी व्यक्त केला. ते गोय सहकार संघावतीन आयोजीत 72 व्या सहकार सप्तकाच्या उक्तावण सुवाळ्यावेळार मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. BYTE

महेश 37

द फेस्टिवल मॅन ऑफ गोवा', म्हल्यार फेस्ताकार 'ह्या नांवान वळख आशिल्ल्या फेस्टिवल निर्माता मारियस फर्नांडीस हाच्या असामान्य प्रवासाची वर्णन  करपी भावनीक प्रायोगिक डॉक्यू-मॉटेज फिल्म मेराकी, बाय द सी,  56व्या आंतरराष्ट्रीय फिल्म फेस्टिवल म्हल्यार इफ्फित गोंय विभागांत अधिकृतपणान वेंचून काडला.byte

DIP 40

खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय 69व्या राष्ट्रीय शाळा खेळां चॅम्पियनशिप 2025 खातीर तायक्वोंडो बुध्दिबळ आनी जलतरण हाचे खातीर निवड चांचण्यो घेतले.

डेस्क 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 22.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले आणि काय प्रमाणात धुके पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला